Panaji regional news 05 oct 2025, 7.20pm

80 कबलात

आरपीएल-एसटीटी उपक्रमांतल्यान गोंय हावसिंग आनी प्रादेशिक उदरगत म्हामंडळ (जीएचआरडीसी), मेधावी कौशल्य विद्यापीठ, आनी बीव्हीजी कौशल्य अकादेमी हांचे मदीं गोंय सरकारान मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला कबलात केल्या.जीएचआरडीसी कर्मचाऱ्यांक आपलें अपूर्ण शिक्षण पुराय करपाक, कुशळटाय प्रमाणपत्रां मेळोवपाक आनी उच्च अभ्यास, स्पर्धात्मक परिक्षा आनी करिअर वाडपा कडेन प्रगती करपाक सक्षम करपाच्या नदरेतल्यान सरकारान हो उपक्रम चालीक लायला गोंय सरकार शिक्षण आनी कुशळटाय विकासा वरवीं आपल्या कामगारांक सशक्त करपाक, शिकपाची आनी फुडें वचपाची नवी संद सुनिश्चीत करपाक कटिबद्ध आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

सीबीटी निकाल 90

कर्मचारी भरती आयोगान तांत्रीक साहाय्यक पदां खातीर घेतिल्ले सीबीटीचे निमाणो निकाल जाहीर केलो. सीवील, मेकॅनिकल/ इलेक्ट्रीकल, कॉम्प्युटर/इलेक्ट्रॉनिक्स फांट्यांतले तांत्रीक सहाय्यकांचीं पदां भरपा खातीर आयोगान 13 आनी 14 सप्टेंबराक परीक्षा घेतिल्ली. परीक्षेचो सविस्तर निकाल आयोगाचे वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

कर्मचारी भरती आयोगान तांत्रीक साहाय्यक (सीवील) 57 पदां, तांत्रीक साहाय्यक (मेकॅनिकल/इलेक्ट्रीकल) 4 पदां, तांत्रीक साहाय्यक (कॉम्प्युटर/ इलेक्ट्रॉनिक्स) आनी तांत्रीक अधिकारी मेळून 6 पदां भरपा खातीर आयोगान 2 मे 2025 दिसा जायरात दिल्ली. तांत्रिक साहाय्यक (सीवील) परीक्षे खातीर 423, मेकॅनिकल/इलेक्ट्रिकलच्या परीक्षे खातीर 50 जाल्यार तांत्रिक साहाय्यक (कॉम्प्युटर/इलेक्ट्रॉनिक, तांत्रिक अधिकारी) पदा खातीर 52 उमेदवारांनी परीक्षा दिल्ली.

120 जी एम आर

जी एम आर गोवा एअर कार्गो लॉजिस्टिकान नॅशनल सेंटर फॉर पोलर अँड ओशन रिसर्च , वास्को हांच्या अंटार्क्टिका संशोधन मोहिमे खातीर पयलेच फावट एक्सपेडिशन नॉन-शेड्युल्ड कार्गो चार्टर येसस्वीपणान सांबाळ्ळें. ताचें संचालन जीएमआर गोवा इंटरनॅशनल एअरपोर्ट लिमिटेड करता. हांगच्यान IL-76 (गजराज) ह्या व्हड सोव्हिएत-डिझाइन केल्ल्या चार इंजिनांच्या विमानान अंटार्क्टिका खातीरचें गरजेचें सामान गेलें. ह्या उड्डाणांत वखदां, जेवण-खाण आनी हेर गरजेचें सामान केपटावन मार्गांत अंटार्क्टिकाक पावयतात. पयलेच फावट मोपा विमानतळावेल्यान उड्डाण केलां. हें विमान जड माल व्हरपाचे तांकी खातीर फामाद आसा, तें दुर्गम भागांत माल, वाहनां आनी कर्मचारी पावोवपाक वापरतात. फाटलीं दोन वर्सां मोपा विमानतळावेल्यान तीन विशेश कार्गो चार्टर येसस्वीपणान सांबाळ्ळयांत. संवसारीक दर्याची मुळावी सुविधा आनी विशेश कार्गो हाताळणीची तांक हाका लागून ही म्हात्वाच्या आनी विशेश कार्गो उड्डाणां खातीर विस्वासू निवड थारता.

*गोंयांत एमएसएमई

पणजी, गोंय – द ईडीसी लिमिटेड, भारतीय उद्देजकता विकास संस्था (ईडीआय), अहमदाबाद हांच्या सहकारान *उद्यमी विकास कार्यावळ (ईडीपी)* *८ ऑक्टोबर ते १०, २०२५* मेरेन, पणजीच्या ईडीसी हाऊसांतल्या ५ व्या माळयार आशिल्ल्या नालंदा हॉलांत *आयोजीत करता.तीन दिसांच्या ह्या उपक्रमांत भाग घेवप्यांक *आर्थीक वेवस्थापन, डिजिटल मार्केटिंग, ब्रँडींग, आनी सरकारी येवजण्यो* हांचेर लक्ष केंद्रीत करून म्हत्वाच्या उद्देजक कौशल्यान सज्ज करपाचो हेतू आसा. तशेंच टिकावू वेवसायीक पद्धतीचेर आनी वाडपाची संद तयार करपाचेर भर दिता, खास करून एमएसएमई क्षेत्रांतल्या आकांक्षी आनी सद्याच्या उद्देजकांक.*ईडीसी सीएसआर उपक्रमांतल्यान, ₹7,500 आनी जीएसटी इतली कार्यावळ शुल्क **90% ईडीसी, गोंय कडल्यान अनुदान दितले, जाका लागून बिगर ईडीसी रिणांत वांटेकार जावपी लोकां खातीर खर्च फकत ₹750 आनी जीएसटी मेरेन उणो जातलो. प्रशिक्षण **विद्यार्थ्यांक आनी ईडीसी रीण मेळोवप्यांक फुकट* आसा.गोंयांत उद्देजकताय उदरगत आनी नवनिर्माणाक चालना दिवपा खातीर ह्या कार्यावळींत *तज्ञ

उलोवपां, वेवसाय नियोजन सत्रां, प्रेरणादायी व्याख्यानां, आनी नेटवर्किंग संदी* आसतले.चड तपशील वा नोंदणी खातीर, भाग घेवप्यांनी *+91 6357 076 314* कडेन संपर्क करूं येता वा *ediigoa.org* चेर भेट दिवंक शकता.

वैजकी शिबिर

वीज मंत्री श्री. रामकृष्ण उर्फ @SudinDhavalikar हांणी पणजीच्या आदिवासी कल्याण संचालनालयाच्या सहकार्यान श्री लक्ष्मीनारायण खेळां आनी समाजीक सांस्कृतीक क्लब, वाडी तलौली, पोंदा हांणी आयोजीत केल्ल्या फोंडांत फुकट वैजकी शिबिराचें उक्तावण केलें.

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज हाग्रामा महिलारी हांकां बोडोलँड टेरिटोरियल काउन्सिलाचे मुखेल कार्यकारी वांगडी म्हणून सोपूत घेतिल्ल्या खातीर परबीं दिली. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान आपल्याक आनी आपल्या पंगडाक तांच्या कार्यकाळाची शुभेच्छा दिली. श्री मोदी हांणी आनीक सांगलें की आपूण आनी आसाम सरकार ह्या काउन्सिलाक आदार दितले आनी व्हड बोडोफा उपेंद्रनाथ ब्रह्माची दृश्टी पुराय करपा खातीर आनी तिची सर्वांगीण उदरगत सुनिश्चीत करपा खातीर सामुहीकपणान वावुरतले.

प्रधानमंत्री

नेपाळांतल्या व्हड पावसाक लागून जिवाक वचप आनी लुकसाण जाल्लें लुकसाण त्रासदायक आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, भारत ह्या कठीण काळांत नेपाळ लोकां वांगडा आनी सरकारा वांगडा उबो आसा. तांणी सांगलें, एक इश्टागत शेजारी आनी पयलो प्रतिसाद दिवपी म्हूण भारताची गरज आसूं येता अशी खंयचीय मजत दिवपाक कटिबद्ध आसा.

अमित शाहा

महाराष्ट्रांत व्हड पावस आनी हुंवाराक लागून शेतवडीचें व्हड प्रमाणांत लुकसाण जालां. महाराष्ट्र सरकारान लुकसाणाचो सविस्तर अहवाल सादर करतनाच केंद्र कसलोच कळाव करिनासतना शेतकारांक व्हड प्रमाणांत मजत करपाची घोशणा करतले अशें केंद्रीय गृह

आनी सहकार मंत्री श्री अमित शाहान आश्वासन दिलां. आयज अहिल्यानगर जिल्ह्यांतल्या लोनी हांगा पद्मश्री डॉ विठ्ठलराव विखे पाटील आनी पद्मभूषण डॉ बालासाहेब विखे पाटील हांच्या जिवीत आकाराच्या पुतळयांचें अनावरण करून, आनी नवीनीकृत पद्मश्री डॉ.

केंद्र सरकारान 2025-26 वित्तीय वर्सा खातीर 3,132 कोटी रुपयांची मजत मंजूर केल्या अशी म्हायती श्री अमित शाहान दिली. हातूंतल्यान एप्रीलांत 1631 कोटी रुपया वितरीत जाले, तातूंत महाराष्ट्रा खातीर 215 कोटी रुपयांचें खाशेलें पॅकेज दिल्लें. रिणाची वसुली तात्पुरती स्थगीत करप, परिक्षांनी विद्यार्थ्यां खातीर सवलती दिवप अशेय जायते निर्णय घेतल्यात अशें तांणी सांगलें.

ह्या का्र्यक्रमांत महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री अजीत पवार आनी एकनाथ शिंदे, केंद्रीय सहकार राज्यमंत्री मुरलीधर मोहोल आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

80 मंत्री पीयूष गोयल

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल फाल्यां सावन कतारांतल्या दोहा शाराक दोन दिसांची भेट दितले. ह्या भेटी वेळार श्री गोयल आपल्या समकक्ष शेख फैसल बिन थानी बिन फैसल अल थानी हांचे वांगडा कतार-भारत संयुक्त आयोग बसकेच्या आयोगाचे अध्यक्षपद वेपार आनी वाणिज्य आयोगाचे अध्यक्षपद सांबाळटले. भारत कतार कडेन आशिल्ल्या वेपार आनी गुंतवणूक संबंदांक कितलें म्हत्व दिता तें मंत्रीमंडळाच्या भेटींतल्यान स्पश्ट जाता अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलें. हे भेटीच्या कुशीक मंत्री कतार चेंबर आनी कतार बिझनेसमन असोसिएशनांतल्या हेर कतार मानेस्त आनी वयल्या पांवड्यावेल्या वेवसायीकांकय मेळटले

हवामान

ईशान्य अरबी समुद्रात निर्माण झालेल्या शक्ती या चक्रीवादळाची तीव्रता वाढत असून पुढच्या काही दिवसात ते अधिक शक्तिशाली होण्याची शक्यता हवामान विभागाने वर्तवली आहे. मुंबई, ठाणे, पालघर, रायगड, रत्नागिरी आणि सिंधुदुर्ग जिल्ह्यांसाठी चक्रीवादळाचा

इशारा देण्यात आला आहे. ७ ऑक्टोबरपर्यंत उत्तर कोकण किनारपट्टी भागात जोरदार वाऱ्यांसह मुसळधार पाऊस पडण्याची शक्यता हवामान खात्याने वर्तवली आहे. समुद्रात सध्या १०० किमी प्रतितास वेगाने वारे वाहत असल्याने मच्छिमारांनी ७ ऑक्टोबरपर्यंत समुद्रात जाऊ नये असा इशारा दिला आहे.